ाणिकराव गावणेकार

कवळुलां

भाग पयलो

1666
P → Dev
MAN

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No. 1148

कवनुलां

(भाग एक)

माणिकराव गावणेकार

1148 G1
09100
1666
P-7 Dec. MAN
Konkani Language & Cultural Foundation (R.) ★ Mangaluru

माणिक पद्म प्रकाशन

कवनुलां
(भाग एक)

© माणिकराव गावणेकार

G, MAN

अक्षर जुळणीः
स्नेह ग्राफिक्स
शंकरवाडी, ताळगांव गोंय

छापपीः
प्रिंटआर्ट ऑफसेट् प्रिंटर्स
कुंडय - गोंय

प्रकाशकः
माणिकराव गावणेकार
माणिकपद्म प्रकाशन
बांदिवडें - गोंय

मोलः रू १८/-

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

१

फूल बाये फूल
दसणीचें फूल
देवाच्या माथ्यार
फूल बाये पडलें
फिस्स करून
फूल बाये हांसलें



२

आरती करतना
जाता कडकडाट
फोगेट्यांचो गडगडाट
घुमट वाजता
थप थप थप
कांसाळें वाजता
झण झण झण
शेमेळ वाजता
ठण ठण ठण



पनवार वाडटात
भर भर भर
लोक वतात
घर घर घर

३
गोठाणीची आयली गाडी
झर झर झर
बाबून मारली उडकी
भर भर भर
गोठाणीक लागलो
बाबूचो पांय
गोठाणीन केलें
हाय हाय
ल्हवूच केली गुठली
कोनशाक वचून बसली



४

वागाचो दांत दुखलो
दोतोर कोलो आयलो
दांताक दोरी बांदली
उज्या कोलती तोंडाकडेन व्हेली
वागान उडकी मारली
दांतां कवळीच
भायर आयली.



WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001666



५

सोंसो गेलो शेतांत
कणस घालें तोंडांत
पांय बुडलो चिखलांत
पांय वयर सरना
कणस खावंक मेळना

६

बाबू खोंक खोंक खोंकलो
अडुळशा म्हऱ्यांत पावलो
अडुळशा पानांचो केलो काडो
बाबूचे खोंकलेक दिलो लॅडो
खोंकलो खंय गेलो?
खोकलो खंय गेलो ?
नांच जालो, नाच जालो.

७

पावस पडटा सरसरसर
बेबो भिजता थरथरथर
सत्री सोदता हांगा थंय
सत्री सोदता हांगा थंय
तेऱ्या पानाची केली सत्री
पोंदा बसलो जसो मंत्री

1666

Language & Cultural Foundation (R) Mangaluru

८

आज्याचे मांडयेर बाबू
आजेचे हांडीर बाय
आजो सांगता काणी
आजी लायता उंडी
आज्याची काणी सोंपली.
बाबू बाय जेवलीं

९

खंय गेल्लो रे गांयडोळा
हांव गेल्लों म्हड्डोळा
म्हाड्डोळा जायां घमघम
गांयडोळाक नाका जालो
धमधम
गांयडोळाक पुरो जालें
म्हाड्डोळा
उठून गेलो पिरवोळा



1666

१०
बाबून धरलें रोंप हातांत
झैतान गेलो पोरसांत
गांयडोळान खणलें बीळ
बाबून रोंपाक घालो पीळ
रोयलें रोंप बिळांत
गांयडोळान घाली
माती खिणांत
रोंप जालें व्हड व्हड
फुलां जाली चड चड



११

बायन घेतली बावली
रस्त्याकुशीक रावली
बायचो कुतू आयलो
तांचे फाटल्यान रावलो
खेळूंक रस्त्यार लागली
आईन तापोवन काडलीं
सगळीं घरांत आयलीं



१२

बाबूकडेन आशिल्लो बोमाडो
फुगय फुगय फुगयलो
बोमाडो 'ठो SS ' फुटलो
बाबू आमचो हांसलो



१३

बाय बाय बाय
जशी दुदावयली साय
आमकां बाये जाय
उलयता पळें तें
पुटू पुटू पुटू
जशी कुळण्यांतली ल्हाय
फुटू फुटू फुटू

१४

आटुली पिटुली माजरां
दिसतात कशीं गाजरां
खेळूंक घेतात बोंदरां
खेळटात वरांचीं वरां
उडक्यो हांच्यो पंदरा
बाबूल्यो ताळयो सतरा
हांस हांस हांसता
हांस हांस हांसता



१५

हरण उडक्यो मारता
घोडो खिंकाळटा
घोड्या घोड्या खंय वता ?
बाबू म्हाका आपयता
हरणा हरणा
खंय धांवता ?
बाबू म्हाका सोदता
आमकां बाबू आवडटा
बाबू बराबर आमी खेळटात.

१६

ऊंट तिरकस चलता
हती ल्हव ल्हव येता
बाबूक ऊंटान उबारलो
आपले फाटीर बसयलो
हतयान बायक उबारलें
आपले फाटीर बसयलें
बाबू बाय भोंव भोंव भोंवलीं
धांवत धांवत घरा आयलीं

१७
मिरसांग तारवटी
खावंक निखटी
लागता तिखट
पूण घाली जर
पापडांत
लागता रूचीक
बाबू खाता पापड
कुरू कुरू कुरू
पेज जेवता
सुरू सुरू सुरू

१८
वाग ना
रानां नात
रानां नात
पावस ना
पावस ना
शेतां पिकनात
शेतां पिकनात
भात जायना

भात जायना
जेंवक मेळना
बाबू म्हणटा
वागाक नाका मारूं
शेतां सगळीं पिकूं

१९
चिंचेच्या झाडा सकयल
बाबू रावलो, बाबू रावलो
वारो आयलो, वारो आयलो
चिंचे बोटां पडलीं
फड फड फड
बाबून पुंजायलीं
चड चड चड
बाबून तीं व्हेलीं घरां
आईन ती कल्लायलीं
दारांत
चिंचे बोटांची केली आमटाण
हुमणाक घाली झेतान
बाबू जेवलो हुमणान
मेंमें खालें घोस्तान

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001666

२०

बाबूल्या कुळागरांत
आसा एक भिंडीचो रोंपो
रोंपो जालो व्हड व्हड,
भिंडां लागलीं चड चड
भिंडां पिकलीं
तांबडीं जालीं
भिंडां पाडलीं घोंसांनी
घरा व्हेलीं खोटल्यांनी
बाबूचे आईन
केलीं सोलां
सोलांची केली कडी
कडयेच्या शिताक
बाबून मारलो भुरको
बाबू पोटभर जेवलो.



२१

सुर्याचीं फांकलीं किरणां
बाबू कांय उठना
एक किरण बाबूचेर
बाबू बसलो हांतरूणाचेर
एक किरण बाबूच्या हातार
पेस्ट घेता ब्रशार
बाबू तोंड धुयता
फस फस फस
उदकाचो घोंट घेता
पूर पूर पूर
च्या पियेता फूर फूर फूर
कपडे घालता फट फट फट
शाळेक वता सट सट सट



8411



विश्व कोंकणी ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY •
1148

२१

सोंप्यार आशिल्लो खुबो
थंय आयलो कोंबो
खुब्याक चोंच मारली
चोंच सामकी दुखली
कोंबो कोंकोंच कों
कोंकोंच कों करीत गेलो
थंय आयलो बुकलो
खुब्याक घांस मारलो
दांतूच पडलो
बुकलो म्यांव म्यांव
करीत गेलो
थंय आयलो कुतू
खुबो तोंडांत धरलो
धांव धांव धांवलो

ACC. NO. 11148
PRICE : 18/-
PLACE OF PUBLICATION :
AUTH
YEAR
TITL

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN